०६.०१.२०२५ ७.२० pm

पणजे हांगाच्या पशुवैजकी म्हाविद्यालयाचे सचीव आनी संबंदीत खात्याच्या मुखेल्या सयत वरिश्ठ अधिकाऱ्यां वांगडा आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी बसका घेतली

राज्य सरकारान दर वर्सा १६ जानेवारी हो अस्मिताय दीस म्हूण मनोवपाचो निर्णय घेतला

करमळेच्या मेगा प्रकल्पा आड आंदोलन जाल्या उपरांत नगरनियोजन खात्यान काम बंद करपाचे आदेश दिल्या

गोंयच्या भौशिक बांधकाम e - module चो उपेग करून कामाचे वेवस्थापन paperless and digital पद्धतीन काम करपाची यंत्रणा आयच्यान चालीक लायल्या

रश्मी 110

पणजे हांगाच्या पशुवैजकी म्हाविद्यालयाचे सचीव आनी संबंदीत खात्याच्या मुखेल्या सयत वरिश्ठ अधिकाऱ्यां वांगडा आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी पर्वरी मंत्रालयात बसका घेतली. म्हाविद्यालय सुरू करपाची जूनांतली मुजत पाळप, कॅम्पस बेगीन पुराय करप, उपकरणांची खरेदी, पशुवैजकी हॉस्पिटल आनी क्लिनीकल संकुल स्थापन करप, शिक्षणीक आनी बिगर शिक्षणीक पदां तयार करप हाचेर चर्चा जाली. तशेंच प्रस्तावीत नुस्तेमारी म्हाविद्यालया खातीर गोंय विद्यापिठा कडेन संलग्नताय, जमनीची उपलब्धताय, येरादारी जोडणी अशा मुखेल प्रस्नांचेरय विचार केलो. बसकेंत नुस्तेमारी क्षेत्रा खातीर प्रगती आनी फुडाराच्या येवजण्यांचो फुडलो नियाळ घेतलो, तातूंत मुळाव्या साधनसुविधांची गरज, नुस्तेमारी मळार पात्र गोंयकारांची उपलब्धताय, नुस्तेमारी म्हाविद्यालय स्थापन करपाचे दिकेन ठोस पावलांचो आस्पाव केला अशी म्हायती ह्या बसके उपरात मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

रश्मी 120

राज्य सरकारान दर वर्सा १६ जानेवारी हो अस्मिताय दीस म्हूण मनोवपाचो निर्णय घेतला.हे विशीं शाळांनी गोंयची अस्मिताय, दायज आनी संस्कृताय हांचेर भर दिवपी कार्यावळी १६ जानेवारीक आयोजीत करच्यो. हातूंत जनमत चाचणी, राज्याचें

गिरेस्त सांस्कृतीक दायज, इतिहास, परंपरा, लोककला, संगीत, नाच आनी हेर सांस्कृतीक कार्यावळी घडोवन हाडूं येतात. शाळांनी विद्याथ्यां खातीर आनी शिक्षकां खातीर जनमत दिसाचें म्हत्व, गोंयची अस्मिताय आदी विशयांचेर निबंद / वक्तृत्व/ पोस्टर देशभक्ती गीतगायन सर्त, पारंपरीक भेस सर्त, प्रस्नमंजुषा,गोंयची अस्मिताय, सांस्कृतीक दायज, गोंयची परंपरा आनी अभिव्यक्ती दाखोवपी उलोवप /जागृताय कार्यावळ,जनमत चाचणेचेर माहितीपटाचें प्रदर्शन अशा कार्यावळीचे आयोजन करचे.ह्यो कार्यावळी कोंकणी/ मराठी/ हिंदी/ इंग्लीश भाशेंत करूं येतात. सहभाग घेतिल्ल्यांचो आंकडो आनी जिओ टॅग केल्ले कार्यावळीच फोटो आनी विडीयो २१/०१/२०२६ दिसा वा ताचे आदीं अपलोड करूंक शकतात असो आदेश शिक्षण खात्यान शाळांच्या वेवस्थापनांक दीला.

<u>गणेश 70</u>

करमळेच्या मेगा प्रकल्पा आड आंदोलन जाल्या उपरांत नगरनियोजन खात्यान काम बंद करपाचे आदेश दिल्या. तशेंच तांत्रीक परवानो रद्द करपा विशीं कारणां दाखयात नोटीसूय जारी केली. हे नोटीसीक ७ दिसांनी जाप दिवप सक्तीचें आसा. करमळेच्या मेगा प्रकल्पा आड ग्रामस्थांनी ४ डिसेंबराक निवेदन दिल्लें. ह्या प्रकल्पाक कायद्याचो विचार करिनासतना मान्यताय दिल्ल्याचो दावो निवेदनांत केल्लो. निवेदना उपरांत ५ डिसेंबराक प्रकल्पाची जोड पळोवणी केल्ली. काम बंद करपा सयत नोटीस जारी केल्या अशी माहिती नगर नियोजन मंत्री विश्वजीत राणे हाणी दिली.

<u>रश्मी 120</u>

दिल्ली भोंवडे वेळार कैंद्रीय येरादारी मंत्री नितीन गडकरी हांणी राज्यांत ७ हजार कोटींच्या ५ प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या. राज्यांत आतां मेरेन ३० हजार कोटींचीं महामार्गाचीं कामां चालीक लागल्यांत. ते भायर राज्यांतल्या पुलांचें तशेंच इमारतींचें बेगीनूच ओडीट जातलें, अशी म्हायती भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी दिली.

राष्ट्रीय महामार्ग ६६ आणि कुंकळ्ळी बायपासाक १९३८ कोटी, जोड रस्त्या सयत नवो बोरी पुल १२३५ कोटी, गोंय-कर्नाटक शिमेर मोल्यां वाठारांत म्हामार्गाचें

चौपदरीकरण २२९6 कोटी, मोल्यां ते खांडेपार जंक्शनाचें चौपदीकरण १००६ कोटी आनी ६०० कोटी खर्चून आर्ले इस्टर्न बायपासचें चौपदीकरण ह्या प्रकल्पांचो आसपाव आसा, तशेच  केंद्रीय रेल्वे मंत्री आश्विनी वैष्णव हांची भेट घेवन रेल्वे क्रॉसिंगा वयर उड्डाण पुल बांदपा खातीर ना हरकत दाखलो दिवपा विशींचेर चर्चा जाली अशी म्हायती दीगंबर कामत हांणी दील्या.

सुशांत 140

आदले शेतकी मंत्री आणि फोंडेचे आमदार रवी नायक हांच्या मरणाक लागून फोंडे विधानसभा मतदारसंघांत पोटवेंचणूक जावपाची आसा. बिरेस्तारा 7 जानेवारी सावन हे पोटवेंचणुके संबंदीत प्रक्रिया सुरू जातली अशें दक्षिण गोंयची  जिल्होधिकारी एगना क्लिटस हाणी पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. फाल्यां सावन ईव्हीएम मशीनांची चांचणी आनी तपासणी सुरू जातली. एप्रिल वा मे म्हयन्याच्या पयल्या सप्तकांत नगरपालिका वेंचणूक जातली देखून ताचे आदीं फोंडेची पोट वेंचणूक घेवप गरजेचें अशें तांणी स्पश्ट केलें.सध्या गोंयांत एसआयआर प्रक्रिया चालू आसा आनी ही प्रक्रिया 15 फेब्रुवारी 2026 मेरेन पुराय जातली, उपरांत फोंडेचे पोटवेंचणुकेची तयारी सुरू जातली अशी अपेक्षा आसा. चडांत चड मार्च 2026 वेच्णूक जावपाची शक्यताय तांणी उक्तायली. फाल्यां सावन संबंदीत कंपनीचे तंत्रज्ञ येतले आनी ते सुमार 200 ईव्हीएम मशीनांची चांचणी आनी तपासणी करतले आणि  सधारित मतदार यादी वापरतले अशीय म्हायती तिणें दिली. अहवाल राज्य वेंचणूक आयोगाक धाडटले. ते उपरांत वेंचणूक आयोग फुडलो निर्णय घेतलो अशेंय ताणी स्पश्ट केलें.

रश्मी 100

गोंयच्या भौशिक बांधकाम e - module चो उपेग करून कामाचे वेवस्थापन paperless and digital पद्धतीन काम करपाची यंत्रणा आयच्यान चालीक लायल्या.ह्या यंत्रणेवरवी e sign पद्धतीन कामाच्या प्रस्तावांक मान्यताय दीवप,कामाच्या प्रकल्पाची digital म्हायती उपलब्ध,data base decison ,भौशिक बांधकाम खात्याच्या assrts चो GIS catlouge ,gis survey, तशेंच हेर बाबींचो आसपाव आसा. भौशिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दीगंबर कामत हांच्या हस्तुकी हि यंत्रण launch जाली. digital काळात प्रशासकीय कारभार digital जावप सामके

महत्वाचे आसा.pwd सारखे मोठे खात्याचे कारभार digital पद्धतीन आपणयल्ल्यान ह्या खात्यातली बरीचशी कामा फटाफट जातली असो विस्वास मंत्री दीगंबर कामत हांणी हेवेळार व्यक्त केला.

<u>रश्मी 110</u>

णवव्या aqua goa mega fish fetival चे आयोजन 9-11 जानेवारी ह्या काळात पणजे कांपालच्या दयानंद बांदोडकर मैदानाचेर केला अशी म्हायती नुस्तेमार खात्याचे मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी दील्या.पर्वरे मंत्रालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले. महोत्सवाचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जातले जाल्यार हो महोत्सव सकाळी 10 ते राती 10 मेरेन उक्तो आसतलो अशी म्हायती मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी दील्या. 3 दीसाच्या ह्या महोत्सवात blue revolution उर्बा दीवपाक तशेंच गोंयच्या नुस्तेमारांक, नुस्ते वेवसायीकांक प्रशिक्षण दीवपाक नुस्ते पोसवण, शाश्वत पद्धतीन नुस्तेमारी, blue economy वीशी मार्गदर्शन राश्टीय पावंड्यावेल्यो परीशदो तशेंच मार्गदर्शन करपी वेगवेगळ्या सत्राचे आयोजन केला अशी म्हायती मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी दील्या.

<u>एनरजी 100</u>

भारत उर्जा सप्तक 2026 ह्या म्हयन्याच्या 27 तारखे सावन गोंयांत जातलें. चार दिसांच्या ह्या कार्यावळींत सरकारी फुडारी, उद्देग कार्यकारी आनी नवनिर्माण करपी एकठांय येवन सुरक्षीत,शाश्वत परवडपी उर्जा फुडाराक चालना दितले. उर्जा सुरक्षा घटमूट करप, गुंतवणूक वाडोवप आनी कार्बन उत्सर्जन उणें करपा खातीर वेव्हारीक आनी प्रमाणीत मार्ग मुखार व्हरप हाचेर ह्या कार्यावळींत भर दितले अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान सांगलां. तज्ञांनी तयार केल्या चार दिसांच्या कार्यक्रमा वेलार , IEW २०२६त मंत्र्यांच्यो गोलमेज परिषद, जागतिक भांडवली प्रवाहार सीईओ संवाद, सार्वजनिक-खाजगी क्षेत्रातलो संवाद, बहुराष्ट्रीय कंपनि , राष्ट्रीय ऊर्जा कंपनि आणि उच्च-वाढीच्या स्टार्टअप्स व्दी तंत्रज्ञानाचे प्रदर्शन, समावेश आसतलो.

रश्मी 60

जागतिक मराठी अकादमीचे 21 वे जागतिक मराठी शोध मराठी ह्या संकल्पनैचेर आधारीत संमेलन 9-11 जानेवारी ह्या काळात कला अकादमीत जातले अशी म्हायती सन्मेलनाचे सरचिटणीर प्रा.अनिल सामंत हांणी दील्या. ह्या सन्मेलनाचे उक्तावण महाराश्टाचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांच्या हस्तुकी जातले.ह्यावेळार गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत ,वीज मंत्री सुदीन ढवळीकार,पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे,महाराश्टाचे सांस्कृतीक मंत्री आशिश शेलार,उद्देग आनी मराठी भाशा मंत्री उदय सामंत हाजीर रावतले.

स्पोर्ट्स 40

अबू धाबीच्या फॉर्म्युला १ ट्रॅक- यास मरीना सर्किट हांगा जाल्या आयएएमई यूएई कार्टिंग चॅम्पियनशिपच्या सातव्या फेरयेत पदार्पणातच जागतिक स्तरार टॉप-फायव्हात स्थान मेळोवपी पयली भारतीय ११ वर्साचे रेसिंग प्रतिभावान अतिका मीर हाणे मिनी कॅटेगरी (वय ८-१२) वेल्यान ज्युनियर एस१२५ कॅटेगरी (वय १२-१४) त एक शानदार बदल केला.

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३२.7 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान १८.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.